**100 टक्के आयएसओ प्रमाणीत कुशळटाय विकास विभाग आशिल्ले गोंय हे एकमेव राज्य- मुख्यमंत्री**

ता. 19 डिसेंबर 2024

100 टक्के आयएसओ प्रमाणीत कुशळटाय विकास खातें आशिल्ले गोंय हे देशातले एकमेव राज्य आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज ताळगांव पठाराचेर गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो उपरांत उलयतना सांगलें.

कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय खात्याच्या कार्यालयाक आयएसओ दर्जा वेवस्थापन (QMS) 9001:2015 प्रमाणपत्र आनी राज्यांतल्या 10 सरकारी आयटीआय संस्थांक भारतीय दर्जा नोंदणी यंत्रणेन आयएसओ शिक्षणीक दर्जा वेवस्थापन प्रमाणपत्र भेटयला, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

पोर्तुगीज राजवटीतल्यान गोंयांक मुक्त करपा खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांक आनी हुतात्म्यांक नमन करून मुख्यमंत्र्यान सांगलें, की सरकारान ह्या वर्सा हुतात्म्यांच्या योगदानाचो भोवमान करपाचो निर्णय घेवन गोंय मुक्ती चळवळीत हुतात्मे जाल्ल्या 15 सुटके झूजाऱ्यांच्या पयल्या पिळगेचे म्हळ्यार पुत-चलयांचो राज्य सरकारान गोंय मुक्ती दिसाच्या पुर्व संध्येक दरेकी 10 लाख रूपया आनी मानपत्र दिवन भोवमान केलो.

मुक्ती उपरांत गोंय राज्यान केल्ल्या उदरगतीचो नियाळ घेतना मुख्यमंत्र्यान सांगलें, की सरकारान राज्यांतल्या साधनसुविधांनी वाड करपा खातीर अनेक विकास प्रकल्प पुराय केल्ले आसून मोपा विमानतळ, जुवारी पूल, उत्तर गोंय जिल्हो आनी सत्र न्यायालय ईमारत अशा मुखेल प्रकल्पांचो तातूंत आस्पाव आसा. गोंयच्या सोबीत सैमाचो सांबाळ करून राज्याचो नियोजीत आनी शाश्वत विकास करपाक आनी लोकांच्या कल्याणा खातीर सरकार बांदील आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

सरकारान राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाची अंमलबजावणी सुरू केल्ली आसून शिक्षणाच्या मळार आवश्यक साधनसुवाधां निर्माण करपाचेर भर दिल्लो आसा, सरकार अक्षय, हरीत ऊर्जा प्रकल्पाक प्रोत्साहन दिता. सरकारान पर्यावणाचो सांबाळ करून खण उद्देग सुरू करप आनी लोकांच्या जीणेत सुदारणा करपाच्या येवजण्यांचेरय भर दिल्लो आसा. म्हादय प्रस्नाचेर सरकार गंभीर आसून राज्याचे हित राखपाक सरकार बांदील आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

सरकार स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमावरवीं लोकांक आपरोजगार तशेंच वेवसाय सुरू करपाक प्रोत्साहन दिसा. युवकांक रोजगार प्रशिक्षण दिवपा खातीर कुशळटाय विकास उपक्रम सुरू केल्ले आसा, तशेंच आप मजत गटांक वेवसाय करपाक आर्थिक मजत दितात, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

गोंयांत 100 टक्के साक्षरतायेचे उद्दीश्ट पुराय करप, प्रत्येक भुरग्याक शिक्षण दिवन ताका सक्षम करप, शाश्वत पर्यटनाक प्रोत्साहन दिवप, हरीत ऊर्जा प्रकल्पांक प्रोत्साहन दिवन हवामानाचो समतोल राखप, गोंयचो सामाजीक सलोखो मजबूत करप, तशेंच विकसीत भारत

2047 आनी विकसीत गोंय 2037 उद्दीश्ट पुराय करपा खातीर लोकांनी सरकाराक सहकार्य करपाचो उलो मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार मारलो.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं उत्कृश्ट सेवेखातीर पुलीस उपअधिक्षक सुदेश नाईक हांका राष्ट्रपती पुलीस पदक भेटयले. तशेंच उत्कृश्ट सेवेखातीर गृहरक्षक, उजो पालोवपी दळाचे अधिकारी आनी नागरी सुरक्षा आपसेवकांक पदकां भेटयली. तशेंच उत्कृश्ट शेतकारांकय पुरस्कार भेटयले

सुवाळ्याक वीज मंत्री श्री. सुदीन ढवळीकर, महसूलमंत्री श्री. आतानासियो मोन्सेरात, आमदार रूडॉल्फ फार्नांडिस, मुख्य सचीव डॉ व्ही कांडावेलू, पुलीस महासंचालक अलोक कुमार, सचीव रमेळ वर्मा, शिश्टाचार सचीव संजीत रॉड्रिग्स उत्तर गोंय जिल्होधिकारी डॉ. स्नेहा गीते, हेर सरकारी सचीव, अधिकारी, विद्यार्थी आनी नागरीक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/710

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.